# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं</u>

ता. 24 डिसेंबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून ख्रिश्चन भावांक मनाकाळजातल्यान नातलांची परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, येशू क्रिस्ताच्या जल्म दिसा नातलांची परब मनयताता. नातलांची परब शांतीकाय आनी सलोख्याची भावना मजबूत करता. नातलांची परब संवसारभर व्हडा दबाजान आनी उमेदीन मनयतात. येशू क्रिस्तान आमकां शांतीकाय, मानवता, दया, क्षमा, त्याग, भावपण आनी सलोख्याचो संदेश दिला. हो पवित्र सण मनयतना आमी एकामेकाक आदार करून जेजू ख्रिस्ताच्या मोग आनी भगसणेच्या संदेशाचे आचरण करपाक जाय.

नातलांचो सण सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय घेवन येव. ह्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी शांतीकाय आनी एकजूट राखून राज्याच्या उदरगतीचो संकल्प करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/721

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.